Panaji National 4th January 2026 6.30pm

PM Varanasi – 120

२०१४ सावन खेळा मळार भारताच्या कामगिरीत सातत्यान  सुधारणा जायत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां. तांणी उत्तर प्रदेशांतल्या वाराणसींत आयज 72व्या राष्ट्रीय व्हॉलीबॉल सर्तीचें व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंग वरवीं उक्तावण केले, त्या वेळार ते उलयताले. 2036 वर्सा ऑलिंपिक खेळां सर्तीचें आयोजना खातीर भारत एक प्रबळ दावेदार आसा अशें तांणी सांगलें.

तांच्या सरकारान राष्ट्रीय खेळा प्रशासन कायदो आनी खेलो भारत धोरण २०२५ ह्या सारख्या उपक्रमां वरवीं  खेळां मळार जायत्यो सुदारणा आनी  बदल केल्यात अशें तांणी मुखार सांगले.

देशाचें खेळां मॉडेल आतां खेळगड्या केंद्रीत जालां, ताका लागून 2014 वर्सा सावन खेळगड्यांच्या यशात लक्षणीय वाड जाल्या अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. खेळां मळार सरकाराच्या यत्नांचेर भर दितना मोदी हांणी सांगलें, सरकार वेगवेगळ्या आंगांचेर काम करता, जातूंत प्रतिभा वळखप,योग्य प्रशिक्षण,पोशक आहार दिवप आनी पारदर्शक निवड प्रक्रिया हांचो आस्पाव जाता.

SHIVRAJ - GRAMG PC - 110

मनरेगा भ्रश्टाचाराचो पर्याय जाल्लो, जंय कामगारांक खुबदा  कुशीक काडटालें आनी तांचे शोशण जाताले अशें ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलां. ते आयज नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयताले.  काँग्रेस विकसित भारत रोजगार आणि उपजीविका हमी अभियान-ग्रामीण-जी राम जी कायद्याबद्दल जनतेची दिशाभूल करता अशे तांणी म्हळें.  पार्टी मनरेगा न्हय, तर तातल्या भ्रश्टाचाराची राखण करपाचो यत्न करता असो आरोप तांणी केला.

विकसित गावाच्या माध्यमातल्यान  विकसित भारताची संकल्पना तांणी  अधोरेखित केली आणि शाश्वत परिणामांक फाठबळ दिवपाखातीर ग्रामीण रोजगारा खातीरच्या  निधीत लक्षणीय वाढ केल्ल्याचे तांणी सांगले.

UNSC –50

अमेरिकेन व्हॅनेझुएलांत केल्ल्या लश्करी कारवायेचेर चर्चा करपाखातीर  संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा परिषद फाल्यां आपत्कालीन बसका घेतली. परिशदेचो अस्थायी वांगडी आशिल्ल्या कोलंबियाच्या विनंतीचेर ही बसका आपयल्या आनी चीन आणि रशिया या स्थायी सदस्यांनी ताका तेंको दिला.

व्हॅनेझुएलाच्या संयुक्त राश्ट्रांतल्या कायमस्वरूपी मिशनान अमेरिकेच्या कारवायेचेर टीका करत आपत्कालीन बसका आपोवपाची मागणी करपी पत्र सुरक्षा परिशदेक धाडिल्ले.

India Venezuela – 60

व्हॅनेझुएलांतल्या हालींच्या घडामोडीं विशीं भारतान खोलायेन हुस्को उक्तायला. व्हॅनेझुएलाचे परिस्थितीचेर भारत बारीकसाणेन नदर दवरन आसा अशें परराश्ट्र मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. भारतान व्हॅनेझुएलाच्या लोकांच्या हिताक आनी सुरक्षे खातीरय तेंको उक्तायलो. ह्या वाठारांत शांतताय आनी स्थिरताय तिगोवन दवरपा खातीर सगल्या पक्षांनी सगले प्रस्न शांततायेन सोडोवपाक जाय अशें भारतान सांगलां.

मजगतीं, व्हॅनेझुएलाची राजधानी कराकसांतलें भारतीय दूतावास भारतीय समुदायाच्या संपर्कांत आसा आनी शक्य तितली मजत करता.

IMD – 60

हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, उत्तर प्रदेश, बिहार, ओडिशा खातीर दाट धुक्यांचो orange alert  जारी केला. तशेंच मध्य प्रदेश, राजस्थान, उत्तराखंड, हिमाचल प्रदेश, झारखंड, अस्तंत बंगाल, छत्तीसगड, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, ह्या वाठारांनीय फाल्यां मेरेन दाट धुकें आसतले. फुडले दोन ते तीन दीस दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, बिहार, उत्तराखंड, राजस्थान ह्या वाठारांनी कुडकुडयाचे शि पडपाचो  अदमास आसा.